- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज गुजरातात 'समुद्र से समृद्धी' कार्यावळींत वांटो घेतले. 34 हजार 200 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें ते उक्तावण करतले आनी बुन्याद घालतले.
- इंदिरा डॉकात मुंबय आंतरराष्ट्रीय क्रूझ टर्मिनलाचें उक्तावण प्रधानमंत्री करतले.
- भारतान जगाक सगळ्या प्रकारच्या दहशतवादाक तोंड दिवपाखातीरच्या प्रयत्नांक बळकटी दिवपाचे आणि खर करपाचे आवाहन केला.
- वेचणूक आयोगान नियमांचे उल्लंघन केल्या खातीर ४७४ नोंदणीकृत मान्यताय नाशिल्ल्या राजकीय पक्षांक वळेरेंतल्यान काडून उडयल्यात.
- आशिया कप क्रिकेटांत काल अ गटांतल्या निमाण्या मॅचींत भारतान ओमानाक 21 धांवड्यांनी हारयलो.

PM Gujarat – 100
प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी 'समुद्र से समृद्धी' कार्यावळींत वांटो घेवपा खातीर आज गुजराताक भेट दितले. तशेंच भावनगरांत 34 हजार 200 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करतले आनी बुन्याद घालतले. तशेंच ह्या निमतान ते उपस्थितांक उद्देशून उलोवप करतले.
प्रधानमंत्री धोलेराचो हवाई सर्वेक्षण करतले. ते नियाळ बसकेची अध्यक्षता करतले आनी लोथाल हांगाच्या राष्ट्रीय सागरी दायज संकुलाक भेट दितले.

सागरी क्षेत्राक व्हड चालना दिवपा हेतान प्रधानमंत्री 7,870 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या सागरी क्षेत्रा संबंदीत जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करतले आनी बुन्याद घालतले अशें प्रधानमंत्री कार्यालयान निवेदनांत म्हणलां. इंदिरा डॉकात मुंबय आंतरराष्ट्रीय क्रूझ टर्मिनलाचें उक्तावण ते करतले.

PM Greece – 30
प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी ग्रीसाचे प्रधानमंत्री किरियाकोस मित्सोताकीस हांचे कडेन दूरध्वनी वेल्यान संवाद सादलो. भारत-ग्रीस रणनितीक भागीदारी आनीक घटमूट करपाची आनी प्रादेशिक शांतताय आनी समृध्दी खातीर दोनूय फुडाऱ्यांनी आपल्या वचनबद्धतेचो पुनरुच्चार केला.

MEA – 95
भारतान जगाक सगळ्या प्रकारच्या दहशतवादाक तोंड दिवपाखातीरच्या प्रयत्नांक बळकटी दिवपाचे आणि खर करपाचे आवाहन केला. जगाक दहशतवादी आणि पाकिस्तान आणि सेना हांच्या मदल्या संबंधांची जाणीव आसा अशे भारतान म्हळां. नवी दिल्लींत पत्रकार परिषदेत पाकिस्तानांतल्या आतंकवादी संघटनांच्या ताज्या व्हिडियोचेर विचारिल्ल्या प्रस्नाक जाप दितना परराष्ट्र मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जायसवाल हांणी सांगलें, अशा घडणुकांक लागून परिस्थिती आनीकूय स्पष्ट जाता.

साउदी अरेबिया-पाकिस्तान करारा विशी प्रवक्त्यान सांगलें, भारत आनी साउदी अरेबिया हांचे मदीं व्यापक धोरणात्मक भागीदारी आसा जी फाटल्या कांय वर्सांत बरीच वाढल्या. ही धोरणात्मक भागीदारी परस्पर हितसंबंद आनी संवेदनशीलताय मतींत दवरतली अशी भारताक अपेक्षा आसा, अशे तांणी सांगलें.

Shivraj GST – 50

केंद्रीय शेती मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी काल नवी दिल्लींत शेतकी यंत्रणे खातीर जीएसटी सुदारणां विशीं बसका घेतली. शेतकी यंत्रणा आनी उपकरणांचेर जीएसटीचे दर 12-18 टक्क्यां वयल्यान 5 टक्के करपाच्या हालींच्या निर्णयाचेर चर्चा जाली. पत्रकारांकडेन उलयतना तांणी सांगले, 22 सप्टेंबर सावन लागू जावपी जीएसटी दरांच्या कपातीचो थेट लाभ शेतकऱ्यांपर्यंत पावपाक जाय.

Rajnath Singh – 40
ऑपरेशन सिंदूर वेळार भारतीय सैन्यान दाखयल्लें समन्वय आनी धैर्य पळयल्यार आतां भारताक जैत मेळप अपवाद न्हय तर ही संवय जाल्या अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी सांगलां. १९६५ वर्साच्या भारत-पाकिस्तान झुजाक ६० वर्सा पुराय जाल्ल्या निमतान नवी दिल्लींत जाल्ल्या कार्यावळींत ते उलयताले.

EC – 100
वेचणूक आयोगान नियमांचे उल्लंघन केल्या खातीर ४७४ नोंदणीकृत मान्यताय नाशिल्ल्या राजकीय पक्षांक वळेरेंतल्यान काडून उडयल्यात.2019 उपरांत ह्या पक्षांनी एकूय वेंचणूक लढोवंक ना, हे प्रक्रियेच्या पयल्या टप्प्यांत फाटल्या म्हयन्यांत आयोगान नोंदणीकृत मान्यताय नाशिल्ल्या 334 राजकी पक्षांक वळेरेंतल्यान काडून उडयले. फाटल्या दोन म्हयन्यांत आयोगान नोंदणीकृत मान्यताय नाशिल्ल्या 808 राजकी पक्षांक हे वळेरेंतल्यान काडून उडयल्यात.

फाटल्या तीन अर्थीक वर्सां खातीर निर्धारित काळा भितर वर्सुकी लेखापरीक्षनाचे अहवाल सादर करूंक नाशिलले 359 नोंदणीकृत, मान्यताय नाशिल्ले राजकी पक्ष आसा अशे आयोगान सांगलां. हे पक्ष देशभरांतल्या २३ वेगवेगळ्या राज्यांनि आनी केंद्र शासित प्रदेशांनी आसात. आयोगान त्या त्या राज्यांच्या आनी केंद्र शासित प्रदेशांच्या मुखेल वेंचणूक कार्यालयांक ह्या पक्षांक कारना दाखय नोटीस जारी करपाचो निर्देश दिला.

Ayurveda – 60
23 सप्टेंबराक गोंयच्या अखिल भारतीय आयुर्वेद संस्थेंत 10वो आयुर्वेद दीस मनयतले. पारंपारीक भारतीय चिकित्सा पद्धतिच्या संवसारीक प्रचारांत हो एक इतिहासीक वाटचिरो थारतलो. काल नवी दिल्लींत आयुर्वेद दिसाच्या उत्सवा विशीं पत्रकारांक म्हायती दितना आयुश मंत्री प्रताप्राव जाधव हांणी सांगलें, भारताची पारंपारीक वैजकी पद्दत संवसारीक पांवड्यार नव्या उंचायेर पावता म्हणून ही सगळ्यां खातीर अभिमानाची गजाल. पयलेच खेपे आयुर्वेद दीस थारावीक तारखेक म्हणल्यार 23 सप्टेंबराक मनयतले.

Rijiju – 30
2047 मेरेन विकसीत भारताचें ध्येय साध्य करपा खातीर बायलां आनी तरणाट्यांचो सक्रीय सहभाग गरजेचो आसा अशें संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हांणी सांगलां.ते काल नवी दिल्लींत फ्यूचर फ्रंटियर कॉन्क्लेवात उलयताले.

India UPU – 30
भारत परत एक फावट  विश्व डाक संघच्या गप्रशासनिक परिषदेत वेंचून आयला. भारतीय टपाल वेवस्थेच्या सुदारणां आनी डिजिटल उपक्रमांचेर संवसारीक समाजाचो विस्वास हाचे वयल्यान दिसून येता अशें संचारण मंत्रालयान सांगलां.

IMD – 40
हवामान खात्यान आज पश्चिम बंगाल चो गांगेय क्षेत्र आनी सिक्किमांत उटनगराचो पावस पडटलो असो अदमास उक्तायला. तशेंच राजस्थान, उत्तर प्रदेश, उत्तराखंड, बिहार, मध्य प्रदेश, महाराष्ट्र, आंध्र प्रदेश,

कर्नाटक, तमिळनाडू, तेलंगाना, पुडुचेरी, आनी देशाच्या ईशान्य वाठारांनी मुसळधार पावस पडपाचो अदमास खात्यान उक्तायला.

Asia Cup – 50

आशिया कप क्रिकेटांत काल अ गटांतल्या निमाण्या मॅचींत भारतान ओमानाक 21 धांवड्यांनी हारयलो. अबू धाबींत पयली फलंदाजी करपी भारतान 20 ओव्हरींनी 8 बाद 188 धांवड्यो केल्यो. ताका जाप दितना ओमानाक फक्त 4 बाद 167 धांवड्यो करप शक्य जाले.

56 धांवड्यो करपी संजू सॅमसनाक प्लेयर ऑफ द मैच घोषित केलो.